Panaji

Regional News

03 APRIL 2026 7:20 PM

मुखेल खबर:

1. फोंडा विधानसभा पोट वेंचणूकेंचो प्रचार इल्लो इल्लो नेट घेवंक लागला. भाजपाचे उमेदवार रितेश नाईक काँग्रेसीचे उमेदवार केतन भाटीकार आनी आप पक्षाचे उमेदवार गीतेश नाईक हांचेमदी ही तिरंगी लडत जातली.
2. चार सप्तकां खातीर खबरां चॅनलांचे टीआरपी उजवाडावचे न्हय असो सरकारी आदेश.
3. मांद्रेचे आदले आमदार दयानंद सोप्टे हांणी तरणाट्यांनी फुडाकार घेवन गरजेच्या वेळार रगतदान करचें अशें आवाहन केलें.
4. केंद्र सरकारान गोंय राज्य सरकार आनी कोचीन बंदर प्राधिकरण हांचे कडेन 'संपन्न' 'प्लॅटफॉर्म-अॅज-ए-सर्व्हिस' दिवपा खातीर कबलात केल्या.

चैत्र उत्सवाच्या निमाण्या दिसा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विठ्ठलापूर सांखळेतल्या विठ्ठल मंदिराक भेट दिवन 'अंतर्गत गोंय' प्रचारांत मंदिर पर्यटनाचे म्हत्व उक्तायलें. आतां गोंयच्या दर्यादिगांकच न्हय तर गिरेस्त सांस्कृतीक दायज आनी भव्य देवळांकडेन पर्यटक आकर्शीत जातात अशें तांणी नदरेक हाडलें.

फोंडा विधानसभा पोट वेंचणूकेंचो प्रचार इल्लो इल्लो नेट घेवंक लागला. भाजपाचे उमेदवार रितेश नाईक काँग्रेसीचे उमेदवार केतन भाटीकार आनी आप पक्षाचे उमेदवार गीतेश नाईक हांचेमदी ही तिरंगी लडत जातली. मतदान ९ एप्रिलाक जातले. ७ एप्रिलाक जाहीर प्रचार सोंपतलो. सद्या सगळे उमेदवार घराघरांनी वचून प्रचार करपाचेर भर दितात. मजगती सरकारान फोंडा विधानसभा पोट वेंचणूकेंखातीर ९ एप्रिलाक मतदारांक भर पगारी सुटी जाहीर केल्या. मतदानांचो हक्क आशिल्ल्या सगळ्या पात्र मतदारांक हाचो लाव मेळटलो. सगळ्या सरकारी, नीम सरकारी कर्मचाऱ्यांसयत वेवसायीक आनी उद्देगीक आस्थापनातल्या कर्मचाऱ्यांक लेगीत सुटयेचो लाव मेळटलो.

राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी 'उद्देगांखातीर उदक ' ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर उदक वाटयात आनी उदका स्रोतांचो सांबाळ करात हो संदेश पाताळावपी कार्यावळी आयोजीत करच्यो अशें गोवा समग्र शिक्षा अभियानाचे प्रकल्प संचालक मनोज सावईकर हांणी मांगलां. २२ मार्च हो संवसारीक उदक दीस म्हूण मनयतात. त्या दिसा सावन आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींचो अहवाल लेगीत फोटो सयत गोवा समग्र कार्यालयाक सादर करचो अशें ह्या विशींच्या परिपत्रकांत म्हळां. उदकां स्रोताक प्रत्यक्ष भेट दिवन थंयच्या उदकां वेवस्थापनाची म्हायती घेवप , उदक ह्या विशयाचेर चर्चा परिसंवाद आयोजीत करप , लोकांकडे संवाद सादप अश्या वेगवेगळया कार्यावळींचो हांतूत आसपाव आसू येता अशे ह्या विशींच्या मार्गदर्शक परिपत्रकात म्हळां.

चार सप्तकां खातीर खबरां चॅनलांचे टीआरपी उजवाडावचे न्हय असो सरकारी आदेश,

संकश्टाच्या काळांत सनसनाटी आनी अनुमानात्मक अहवालाचेर आळाबंदा हाडप हो सरकाराचो हेत आसा. 'ऑपरेशन सिंदूरावेळार कांय खबरां चॅनल गरजे भायर, सनसनाटी आनी फकत अदमासाचेर आदारीत खबरो प्रसारीत करताले. संघर्श वा संकश्टाच्या काळांत टीव्ही चॅनलांचे अशें वागणे  खूबदां दिसून आयलां. अशा खबरां अहवालांक लागून लोकां मदीं भंय निर्माण जातात. खबरदारीचो उपाय म्हणून चार सप्तकां खातीर खबरां चॅनलांचे टीआरपी उजवाडावचे न्हय अशे आदेश सरकारान जारी केल्यात. सरकाराच्या ह्या निर्णयाक सगळया संबंधितांनी येवकार दिला, अशी म्हायती – 'म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री' एल.मुरुगान हांणी लोकसभेंत दिली.

शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी हाउसिंग बोर्ड, बोर्डे हांगा बिचोलेच्या पयल्या फुटसाल मैदानाचें उक्तावण केलें. ह्यावेळार ताणी थळावो रोजगार निर्माण करपी आनी मुळावी बांदावळ सुदारपी प्रकल्पांची गरज उक्तायली. आमदार चंद्रकांत शेटये ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

रगतदान हें एक भोव म्हत्वाचें दान, जाका लागून जायत्या जाणांचो जीव वाटावता. ते खातीर मांद्रेचे आदले आमदार दयानंद सोप्टे  हांणी तरणाट्यांनी फुडाकार घेवन गरजेच्या वेळार रगतदान करचें अशें आवाहन केलें.

सरस्वती फावंडेशन आनी मांद्रे भाजपा मंडळ युवा मोर्चा हांणी मांद्रे जिल्हॉ पंचायत सभाघरांत घडोवन हाडील्ल्या रगतदान शिबिराच्या उक्तावण सुवाळयांत ते उलयताले.
दर वर्सा रगतदान शिबिर घडोवन हाडटात आनी ह्या शिबिराक नागरिकांचो आपोआप प्रतिसाद मेळटा. युवा मोर्चा कामगारांच्या यत्नांतल्यान अशे तरेचे उपक्रम चालीक लायतात, आनी जायत्या जाणांचो जीव वाटावला.

केंद्र सरकारान गोंय राज्य सरकार आनी कोचीन बंदर प्राधिकरण हांचे कडेन 'संपन्न' 'प्लॅटफॉर्म-अॅज-ए-सर्व्हिस' दिवपा खातीर कबलात केल्या.

'संपन्न' सॉफ्टवेरावरवीं दूरसंचार खात्यान गोंय सरकार आनी कोचीन बंदर प्राधिकरण हांचे वांगडा भागीदारी करून 'सेवा तुमच्या दारांत' ही संकल्पना हेर संघटनां मेरेन पावयल्याचे ज्योतिरादित्य एम. सिंधीया हहाणी म्हणला.

'संपन्न' (सिस्टम फॉर अकाउंटिंग अँड मॅनेजमेंट ऑफ पेन्शन) ही प्रधानमंत्री डिजिटल इंडिया मिशनाच्या दृश्टीकोना प्रमाण विकसीत केल्ली वेगान चलपी ऑनलायन व्यापक पेन्शन वेवस्थापन पद्दत. केशी दाखल करपा सावन पेन्शनाचे वितरण आनी हिशोब मेरेनची पुराय पेन्शन प्रशासन प्रक्रिया तातूंत आस्पावता.

शिरगांव लईराई देवीच्या जात्रेक पोरू वर्सा जाल्ल्या खेटाखेटी उपरांत आतां शिरगांव लयराई देवी जात्रेचेर सीसीटीव्ही वरवीं नदर दवरतले, अपघात जावचे न्हय म्हूण सुरक्षेची जतनाय घेतले. जात्रा सुटसुटीत आनी सुरक्षीतपणान चलोवपा खातीर जायत्या खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांचो आस्पाव आशिल्लो खाशेलो पंगड तयार केला.जिल्लोधिकाऱ्यांनी जात्रे दिसा गर्देचेर नियंत्रण दवरपा खातीर आनी उत्सव बरे भशेन जावचो या खातीर कांय मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. हे नेम खरपणान पाळचे अशेंय आवाहन जात्रेक येवपी भाविकांक केला.

अंदूं शिरगांवचे लयराई देवीची होमखण जात्रा २१ एप्रीलाक जातली. हे जात्रेक सगल्या भाविकांक देवळांत प्रवेश दितले. ह्या दिसा व्हडली गर्दी अपेक्षीत आसा. हाका लागून सगल्या भाविकांनी आनी धोंडांनी शिस्त पाळून प्रशासनाक सहकार्य करचें, असो उलो देवळाचे अध्यक्ष दीनानाथ गांवकार हांणी मारला.

मनीस कुळएक मार्ग दाखोवंक जेजू ख्रिस्त स्वतः खुरसार चढलो. ताच्या त्यागाचो उगडास म्हणून पवित्र सुक्रार पाळतात. ह्याच विधीचो एक वांटो म्हणून आज सगळ्या इग्रजांनी जेजू ख्रिस्ताक खुरसार मारपाचे विधी करतात. मडगाव हांगाच्या मोती डोंगरार आशिल्ल्या कपेला सामकार हे विधी जाले. सुमार २५ मीटर उंच आशिल्ल्या खुरसार हांगा जेजुची प्रतिमा चढयतात आणि हो विधी पळोवंक शेकड्यांनी भाविक जमतात. बाणावली हांगाय अशे विधी जाले. सांजवेळा ह्या निमतान जेजूच्या मरण यात्रेचे पुरसाव जाले.

2026 वर्साखातीर गोंय सरकारान वेगवेगळे उत्सव आनी उत्सव निमतान रातच्या 10:00 ते मध्यान रातीं 12:00 वरां मजगतीं ध्वनी वा भौशीक वेळार संगीत वापरपाची अधिकृतपणान परवानगी दिल्या. ह्या प्रकरणा संबंदी गृह खात्यान खाशेली अधिसुचोवणी जारी करून विशिश्ट दिसां खातीर आवाज प्रदुशणाच्या नेमांतल्यान दोन वरांची शिथीलताय दिल्या. हे अधिसुचोवणे प्रमाण सुट दिल्ल्या दिसांनी संगीत वाजोवपाखातीर तशेंच स्पीकर लावपाखातीर संबंदीत ग्राम पंचायत, नगरपालिका, वा थळाव्या प्राधिकरणाक औपचारीक अर्ज सादर करप सक्तीचें आसा. सणाच्या हंगामांत आवाजाच्या पातळेचेर नियंत्रण दवरपा खातीरय सुचोवण्यो जारी केल्यात. आवाजाची पातळी थारायिल्ले मर्यादे परस चड दिसल्यार वा मध्यान रातच्या मुजती भायर उरल्यार संबंदीत अधिकाऱ्यांनी बेगोबेग कायदेशीर कारवाय करतले अशें सरकारान स्पश्ट केलां.

गोंय क्रिकेट असोसिएशनान आयोजीत केल्ले गोंय प्रिमीयर डिव्हिजन लीग सतीतले तिसरे फेरयेंतल्यो उरिल्ल्यो दोनूय मॅची ड्रॉ जाल्यो, पूण, पयल्या डावांत घेतिल्ल्या आघाडीच्या नेटार साळगांवकार क्रिकेट क्लब आनी जीनो स्पोर्ट्स क्लब हांणी मॅच गाजयल्यो.

उत्तरेकडल्या गुजरात दर्यादिगेच्या कांय वाठारांनी आनी उत्तरेकडल्या अरबी दर्यांत 35-45 किलोमीटर प्रतिवर वेगाचे वादळी वारे मारपाची शक्यताय आसा. नुस्तेकारांक या वाठारांनी वचचें न्हय अशी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.